**Panaji national news 16.11 2025,6.30pm**

**सीपी राधाकृष्णन**

तरणाट्यां मदीं आशावाद निर्माण करपा खातीर राष्ट्रांतल्या सकारात्मक घडामोडींचेर भर दिवपा खातीर प्रसार माध्यमांची म्हत्वाची भुमिका उपाध्यक्ष सीपी राधाकृष्णन हांणी रेखांकित केली. आयतारा नवी दिल्लींत जाल्ल्या मनोरमा न्यूजमेकर ॲवॉर्ड्स 2024 सुवाळ्याक हाजीर रावतना पत्रकारिता आवाज नाशिल्ल्यांक आवाज दिवपाचें काम करता अशें तांणी सांगलें. जागृताय पातळावन आनी जबाबदार भौशीक प्रवचनांक आकार दिवन ड्रग्स मुक्त समाज तयार करपाक प्रसार माध्यमांची म्हत्वाची भुमिका तांणी फुडें उजवाडायली. ह्या संदर्भार श्री राधाकृष्णन हांणी केंद्रीय पर्यटन आनी पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू राज्यमंत्री सुरेश गोपी हांकां मनोरमा न्यूजमेकर पुरस्कार भेटयलो. तशेंच सिनेमा आनी राजकारण ह्या दोनूय मळार तिगोवन दवरपा खातीर आनी येस मेळोवपा खातीर श्री गोपीची तोखणाय केली.

**प्रधानमंत्री**

राष्ट्रा खातीर काम करून कितें तरी नवें योगदान दिवपाची भावना निर्माण जाता तेन्ना ती अफाट प्रेरणा निर्माण जाता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भर दिला. काल सूरतांत ह्या प्रकल्पाचो नियाळ घेतले उपरांत भारताच्या पयल्या बुलेट रेल्वे प्रकल्पाच्या पंगडा कडेन संवाद सादतना श्री मोदी हांणी अशें सांगलें. देशांतलो पयलो उपग्रह प्रक्षेपण करपी शास्त्रज्ञांक कसो भोगलो आसतलो, आनी आयज शेंकड्यांनी उपग्रह कशे प्रक्षेपण करतात हाचो उगडास करून ताणें भारताच्या अंतरिक्ष प्रवासाक समांतरता काडली.

भारताच्या लोकशायेंत प्रेसाची म्हत्वाची भुमिका आसा अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां. राष्ट्रीय प्रेस दिसा निमतान नवी दिल्लींत पत्रकारां कडेन उलयतना श्री वैष्णव हांणी सांगलें, पत्रकारांची विस्वासपात्रताय वाडोवपा खातीर आनी चुकीची म्हायती आडावपा खातीर प्रेस दिसा व्याख्यान आयोजीत केल्लें. प्रेस आनी मिडिया उद्देगांत वावुरपी सगल्यांक तांणी ह्या संदर्भार परबीं दिली. तशेंच ह्या संदर्भार म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री डॉ. पत्रकारिते खातीर प्रामाणीकपण, अखंड वचनबद्धताय, आनी जिद्दाची गरज आसा अशें न्यायमूर्ती रंजना प्रकाश हांणी आपल्या संबोधनांत सांगलें. पत्रकारिता हो फकत वेवसाय न्हय, तर सत्याचो सोद घेवप अशें तिणें सांगलें. धैर्याची मागणी करपी हो वेवसाय. दर वर्सा 16 नोव्हेंबराक राष्ट्रीय पत्रकार दीस मनयतात. ह्याच दिसा भारतीय प्रेस काउन्सिलाची थापणूक

जाली आनी १९६६ वर्सा पत्रकारितेचो चवथो खांबो म्हूण ही काउन्सिल स्वतंत्रपणान वावुरपाक लागली.

**अमित शाह**

110

फाल्यां हरियाणाच्या फरीदाबादांत उत्तर विभागीय मंडळाचे 32वे बसकेचे अध्यक्षपद केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह करतले. हे बसकेंत उत्तर वाठारांतल्या वांगडी राज्यांक आनी संघराज्य प्रदेशांक एकठांय हाडून प्रादेशिक आनी राष्ट्रीय संबंदीत प्रस्नांचेर चर्चा जातली. हरियाणा, हिमाचल प्रदेश, पंजाब, राजस्थान, दिल्ली, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, आनी चंडीगढ हांचे वरिश्ठ अधिकारी वांटो घेतले. केंद्र आनी राज्यां मदीं सहकारी संवाद सादपा खातीर मंच एक संरचीत मंच दिता. राज्य पुनर्गठन कायदो, १९५६ खाला स्थापन केल्ल्या प्रमाण विभागीय मंडळां जायत्या राज्यांचो आस्पाव आशिल्ल्या गजालींचेर उपाय काडपाखातीर सल्लागार संस्था म्हूण काम करतात.

फाटल्या इकरा वर्सांत वेगवेगळ्या मळार परस्पर समजूती आनी सहकार्याचे भलायकेन भरिल्ले बंधन वाडोवपा खातीर आनी जायते आंतरराज्य प्रस्न सोडोवपाक मदत करपा खातीर वेगवेगळ्या विभागीय मंडळांची आनी तांच्या कायम समित्यांची वट्ट 63 बसका जाल्यात.

80 बॉक्सिंग

ग्रेटर नोयडा हांगाच्या शहीद विजय सिंग पाठीक स्पोर्ट्स कॉम्प्लेक्सांत जाल्ल्या संवसारीक बॉक्सिंग कप फायनलीच्या पयल्या दिसा भारतान जैतिवंत सुरवात केली आनी क्वार्टर फायनलींत जैत मेळोवन चारय मुष्टियुध्दपटू उपांत्य फेरयेंत पावले.

बायलांच्या 48 किलो आनी 58 किलो विभागांत मिनाक्षी आनी प्रीती ह्या दोगांयनी अनुक्रमान कझाकस्तानाची बोलत आकबोटा आनी उझबेकिस्तानाची उक्तमोवा निगिना हांचे आड एकमतान जैत मेळयलें.

भारतीय दादल्यांनीय जैतां कडेन सुरवात केली: दादल्यांच्या 80 किग्रॅ आनी 90+ विभागांत अंकुश आनी नरेंडर अनुक्रमान जपानचो वाकाया गो आनी युक्रेनचो मामासोलिव्ह खालिमजोन हांचे आड जैत मेळोवन उपांत्य फेरयेंत पावले.